आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 30/05/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या कार्यावळीत १५ नर्सिंग व्यावसायिकांक ह्या वर्साचे राष्ट्रीय फ्लोरेन्स नाइटिंगेल पुरस्कार भेटयले. नर्सिंग मळार केल्ल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर तांका हे पुरस्कार फावो जाल्यात .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या कानपूरांत 47हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयलो. कानपूर मेट्रोच्या नव्या कॉरिडोराक ताणें पंचवो बावटो दाखयलो . ह्यावेळार उलयताना तणी महळा (बाइट्स 30 सेक)

आतंकवादा आड भारताचे झुज सदाच चालू उरतले आनी ती केन्नाच थांबचे ना अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. तशेंच ऑपरेशन सिंदूरा वेळार सशस्त्र दळांच्या शौर्य आनी धैर्याची तांणी तोखणाय केली. हाचे आदीं ताणी बिहाराच्या कारकटांत 48 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले . हातूंत 5500 कोटी रुपया मोलाचो फोर लेन पटना-गया-दोभी म्हामार्ग आनी 249 कोटी रुपया मोलाचो गोपाळगंज म्हामार्गाचो आस्पाव जाता. एनडीए सरकार बिहाराचे उदरगतीखातीर सातत्यान यत्न करता अशे तांणी सांगले .

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी समेस्त गोंयकारांक गोंय घटक राज्य दिसाचो परबीं दिल्यांत. गोंयचे गिरेस्त दायज ,सोबीत सैम आनी दर्यावेळो संवसारभरांतल्या पर्यटकांक सदाच आकर्शीत करतात अशे सोशल मिडिया पोस्टांवरवी राष्ट्रपतीनी म्हळा. तशेच गोंयचें गिरेस्त दायज आनी संस्कृताय तिगोवन दवरपा खातीर गोंयच्या लोकांनी आनी पर्यटकांनी एकठांय येवन वावुरचें अशें आवाहन राष्ट्रपतीनी केलें.

सर्वोच्च न्यायालयान 15 जून दिसा पदव्युत्तर NEET-PG २०२५ खातीर जावपाची आशिल्ली राष्ट्रीय पात्रताय-सह-प्रवेश परीक्षा दोन पावंडया बदला एकाच पावंडयार घेवपाचो आदेश आयज दिला. न्यायमूर्ती विक्रमनाथ हांच्या फुडारपणाखाला खंडपिठान एकाच शिफ्टांत पावंडयार परिक्षा घेवपाची वेवस्था करून पुराय प्रक्रियेंत पारदर्शकता सुनिश्चीत करपाचे  निर्देश अधिकार् यांक दिल्यात

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी आयज जंमूकाश्मीरांतल्या पुंछ वाठाराक भेट दिली. ऑपरेशन सिंदूर वेळार पाकिस्तानान केल्या फारपेटात काश्मीरांत शिमेवयल्या वाठारांनी मालमत्तेचें आनी धर्मीक थळांचें लुकसाणीचे प्रत्यक्ष मुल्यांकन केलें. तशेच पीडित कुटुंबांची भेट घेवून तांचेखातीर खाशेलें रिलीफ पॅकेज जाहीरकेलें आनी फारफेटात मरण आयिल्ल्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक नेमणूक पत्रां  भेटयटलीं. ह्यावेळार तणी सांगले (byets 22 sec ) . तशेंच 3 जुलय सावन सुरू जावपी वर्सुकी अमरनाथ यात्र खातीर सुरक्षा आनी हेर वेवस्थेचोय नियाळ तांनी ह्यावेळार घेतलो .

प्रसार भारतीन प्रसारण आणि प्रचारा खातिर ऑडिओ व्हिज्युअल

Pb-शब्द वरवी youtubers  पॉडकास्टर्स आणि व्हिडिओ संपादकांक निशुल्क सेवा दिवसाच्या हेतान नोंदणी करपाचे आवाहन केला.

संरक्षण मंत्रालयान म्युनिशन्स इंडिया लिमिटेड (एमआयएल), आर्मर्ड व्हेइकल्स निगम लिमिटेड (एव्हीएनएल) आणि इंडिया ऑप्टेल लिमिटेड (आयओएल) हांकां मणीरत्न श्रेणी-। दर्जो दिवपाक मान्यताय दिल्या. हो दर्जो ह्या कंपनींक नेटान वाडीचो मार्ग उक्तो करपाक आनी संरक्षण उत्पादन आनी निर्गतींत नवी उंचाय मेळोवपाक मजत करतलो असो विस्वास सिंग हाणी उक्तायलो.

भारतीयांच्या आपल्या देशाविशींच्या विचारांत सकारात्मक बदल दिसपाक लागला म्हणून पुराय संवसाराची भारता विशींची धारणात  व्हड बदल जाल्यात  अशें केंद्रीय संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत हांणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींत भारतीय उद्देग संघटनेचे वर्सुकी वेवसायीक शिखर सभेंत ते उलयताले.

चालू अर्थीक वर्सा भारत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था म्हूण आपली सुवात तिगोवन दवरतलो अशें भारतीय रिझर्व्ह बँकेन सांगलां. . सरकार चालू अर्थीक वर्सात उत्पादन क्षेत्रांत वाड जावपाची शक्यतायेखातीर सकारात्मक धोरणां चालीक लायता अशेंय रिझर्व्ह बँकेन म्हळा.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगालचो गांगेय वाठार, बिहार, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल, कर्नाटकाच्या दर्यादेगेर, केरळ, आनी माहेत काय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच  फुडल्या 7 दिसांत देशाच्या ईशान्य वाठारानी मध्यम पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला  .

सिंगापूर ओपनबॅडमिंटन सरतीत दादल्यांच्या दोट्टी गटात सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी ह्या भारतीय जोडयेन उपांत्य फेरयेंत पावल घातला .

IPL T20 क्रिकेट सर्तीत आयज एलिमिनेटर खेळात चंडीगढांतल्या महाराजा यादवद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानात गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स पंगडामंदी खेळ जातलो . हो खेळ सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर